2019 IV 13 | 0930 | Seat No. [ | | | | ]

Time : 2½ Hours

**KONKANI (T. L.)**

(For Childern With Special Needs)

**Subject Code**

| S | 1 | 4 | 7 |
|---|---|---|---|

**Total No. of Questions : 7** **(Printed Pages : 12)** **Maximum Marks : 80**

***सुचोवण्यो :*** (*i*) दरेका प्रस्नाची जाप नव्या पानार सुरू करची.

(*ii*) प्रस्न आनी उप-प्रस्नांचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

(*iii*) सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात.

(*iv*) उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण धरचे.

1. (क) सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फाव तो पर्याय विधानामुखार बरोवन विधान पुराय करून बरयात : 3

(अ) एक समाज कार्य केल्ल्याची खोशी म्हूण जाणटेलो ..........................

(1) शेजाऱ्याक वखद हाडून दिता.

(2) कांय दोतोरांक सोडून काडपाचो वावर करता.

(3) दोतोरांक मेळून येता.

(आ) कॉलनींतल्या लोकांनी असो निर्णय घेतलो तो म्हणल्यार ..........................

(1) एक तर रामनाथाल्या फामिलीन फ्लॅट सोडून वचप.

(2) एक तर रामनाथाल्या फामिलीन वाडो सोडून वचप.

(3) एक तर रामनाथाल्या फामिलीन गांव सोडून वचप.

(इ) लोकवेदांचें स्वरूप दोन प्रकारांची मोडटा तें म्हळ्यार ..........................

(1) समाजीक आनी अधार्मीक.

(2) असमाजीक आनी धार्मीक.

(3) समाजीक आनी धार्मीक.

(ख) सकयल दिल्लीं विधानां कंवसांत दिल्ल्या पाठांच्या बरोवप्यांचीं आसात. तीं वळखून पाठांच्या बरोवप्यांचीं नांवां बरयात : 2

(फेलिसियु कार्दोझ, मधुसूदन बोरकार, अजित पैंगीणकार, दत्ता दामोदर नायक)

(1) ॲमस्टरडॅमात एक मजेदार अणभव आयलो.

(2) पुर्तुगालांत आसताना व्हड-व्हड मनशाकडेन ताची वळख जाली.

(ग) सकयल दिल्लीं विधानां कोणें कोणाक म्हणल्यांत तें सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान वेचून काडून बरयात : 3

(अ) "हांव तर हयाच खिणाची वाट पळयतां."

(1) कल्पनान एका भारतीय अधिकाऱ्याक म्हणलें.

(2) कल्पनान एका भारतीय पत्रकाराक म्हणलें.

(3) कल्पनान एका भारतीय वैज्ञानिकाक म्हणलें.

(आ) "बरो आसा जाल्यार हें अशें कितें जाता तर ?"

(1) मंदाकिनीन प्रतापाक म्हणलें.

(2) मंदाकिनीन दादीक म्हणलें.

(3) मंदाकिनीन केशवाक म्हणलें.

(इ) "कॅन्सर जावंक ना. पूण एक दीस जायतूय बी."

(1) दोतोर इश्टान बरोवप्याच्या चलयेक म्हणलें.

(2) दोतोर इश्टान लक्ष्मणराव सरदेसायाक म्हणलें.

(3) दोतोर इश्टान बरोवप्याच्या बायलेक म्हणलें.

(घ) (अ) सकयल दिल्ल्यो रित्यो सुवाती कंवसांत दिल्ल्या फाव त्या उतरांनी भरून वाक्यां परत बरयात : 4

(1) आमचे ........................... एक पद्धत आसली.

(मावशेची, आज्जेची, मांयची)

(2) ती उमळशिकेची ........................... एकदांची सोंपली आनी सकाळ उदेली.

(रात, सांज, आमोरी)

(3) अब्बा! कसलो तर ........................... हो!

(आंबो, पणस, माड)

(4) तांबडो बावटो दाखयल्यार ........................... थांबता.

(बोट, गाडी, विमान)

(आ) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय चार** प्रस्नांच्यो जापो आठ-धा उतरांनी बरयात : 8

(1) सायमनाच्या पायची निमणी इत्सा कितें आसली ?

(2) शेतांत काम करपी मनशाचे खुशालकायेक केन्ना शीम-मेर उरना ?

(3) प्रणिता प्रतापाक सोंदूक कित्याक भायर सरलें ?

(4) हॉलंडाचीं सगळीं शारां खंय वसल्यांत ?

(5) भुंयकांपातल्यान राखण करपाक सुरक्षीत उपाय खंयचो ?

(6) राजन आनी हेलन खंयचे सर्तींत वांटो घेवपाचीं आसलीं ?

2. (क) सकयल दिल्ल्या कवितेंतल्या वळींतल्यो रित्यो सुवाती कंवसांत दिल्ल्या फाव त्या उतरांनी भरून वळी परत बरयात : 4

(1) गोंधळूं नाका ........................... तुजें लाख मोलाचें.

(कार्य, काम, ध्येय)

(2) तुजे जिणें आसा ……………………… हालते खांदयें खांदयेंत.

(गायना, गितां, पदां)

(3) आमोरेचेर ……………………… मोगरेक फुलता कळो.

(आंगणांतल्या, पोरसांतल्या, भाटांतल्या)

(4) तुजो ……………………… आनी तुजी दानत म्हज्या समेस्त पेल्यांच्या काळजांत रूजूं दी.

(शक्ती, त्याग, मोग)

(ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय चार** प्रस्नांच्यो जापो आठ-धा उतरांनी बरयात : 8

(1) जिणेंत भरती सुकती येवप म्हणल्यार कितें ?

(2) फूल संवसाराक कितें शिकयता ?

(3) बाबुलो दुयेंत आसतना मांयन ताची सेवा कशी केल्या ?

(4) आमी खंय नाचूंया गावंया अशें कवी उदय भेंब्रे म्हणटा ?

(5) आमी कोणाची देख घेतल्या ?

3. (क) सकयल दिल्ल्या वाक्यांनीं आडी मारिल्ल्या उतरांचे सुवातेर कंवसांत दिल्ल्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परत बरयात : 4

(उजरावन काडप, दांत पाजोवन बसप, सावचीत जावप, कपलार हात मारप, मरणाची घडी तेंकप)

(1) तेल हाड म्हळ्यार शिवान तूप हाडलें तेन्ना ताचे आवयन <u>नशिबाक दोश दिलो</u>.

(2) वर्गांत येवपाक भुरग्यांनी उशीर केलो तेन्ना टिचर तांचेकडेन खर उलयली.

(3) बाबुमामा पणसाच्या भुरग्यांक खावचे खातीर जायते दीस जाले रूच काडून रावला.

(4) उदक मारिनाफुडें रस्त्यार पडिल्लो चलो साबुद्दीर आयलो.

(ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांची उरफाट्या अर्थाचीं उतरां बरयात : 2

(1) मुखार

(2) व्हड

(3) मोव

(4) पिसो.

(ग) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांचीं विशेशणां करून बरयात : 2

(1) मोग

(2) मस्तेपण

(3) उंचाय

(4) गूण.

(घ) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय दोन** उतरांची भावनामां करून बरयात : 2

(1) वायट

(2) धीट

(3) हुशार

(4) काळो.

4. (क) सकयल दिल्ल्या वाक्यांनी कंवसात दिल्ले सुचवणेप्रमाण बदल करून बरयात (**खंयच्याय दोन**) : 2

(1) चलो उदक पिता.

(वचन बदलून बरयात)

(2) तूं मात ह्या भेसांत बरें दिसता.

(न्हयकारी करात)

(3) म्हज्या दोग जाण पूत शेजाऱ्याक.

(उतरांची फाव तशी माडणी करून बरयात)

(4) सायमन सगळो चिप्प भिजला.

(भविश्यकाळांत बरयात)

(ख) सकयल दिल्लीं **खंयचीय चार** अव्ययां वापरून दरेकी **एक-एक** वाक्य घडयात : 4

(1) पूण

(2) लागून

(3) थंय

(4) शाब्बास!

(5) मुखार.

5. सकयल दिल्लो संवाद तुमच्या उतरांनी पुराय करून बरयात : 6

शिक्षक : आरे राजू, जालां कितें ? असो तकली सकयल घालून कित्याक बसला ?

राजू : ...........................................................

शिक्षक : काल कितें खाल्लें तुवें ?

राजू : ...........................................................

शिक्षक : आरे बाबा, अशें उक्ताडावयलें खाण खावप सारकें न्हय. तें खालें म्हणटकच अशेच त्रास जातात.

राजू : ...........................................................

6. (क) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात : 6

मनीस पुस्तकां कित्याक वाचता ? पुस्तकांतल्यान आमकां नवीन विशय शिकूंक मेळटात आनी आमी गिन्यानी जातात. मन रमोवपाचें सादन म्हणल्यार पुस्तक. जिविताचीं मुल्यां आमकां पुस्तक शिकयता. शिक्षणीक पुस्तकां भायर वेग-वेगळ्या विशयांचेर आदारीत पुस्तकां आसतात. कथा, कविता, निबंद, नवलकाणी आदी आमकां पुस्तकांनी वाचूंक मेळटा. विद्यार्थ्यांनी शिक्षणीक पुस्तकां वाचचीं ते भायर हेर विशयांचेर आदारिल्लीं पुस्तकांय वाचचीं. व्हड मनशांची चरित्रां वाचल्यार मनशाचे जिणेक दिका मेळप सोपी जाता.

रित्यो सुवाती भरात :

(अ) मन रमोवपाचें सादन म्हणल्यार ....................................

(टि.वी, पुस्तक, मोबायल)

(आ) वेग-वेगळ्या .................................... आदारीत पुस्तकां आसतात.

(विशयांचेर, पाठांचेर, अणभवांचेर)

**प्रस्न :**

(इ) पुस्तकांनी आमकां कितें-कितें वाचूंक मेळटा ?

(ई) विद्यार्थ्यांनी कसलीं पुस्तकां वाचचीं ?

(उ) कसलीं पुस्तकां वाचल्यार मनशाचे जिणेक दिका मेळप सोपें जातलें ?

(ऊ) जिविताचीं मुल्यां आमकां कोण शिकयता ?

(ख) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचो कोंकणीत अणकार करून बरयात : 2

Goan people like to each fish. They want fresh fish everyday.

(ग) सकयल दिल्ल्या चित्रांच्या आदारान सुमार **50-60** उतरांची काणी पुराय करून बरयात आनी फावो तो माथाळो बरयात : 6



खूब वर्सां पयलीं एक कावळो आनी कावळीण एका व्हडल्या आंब्याच्या झाडाचेर घोंटेर बांदून रावतालीं. ..........................................................................................

..........................................................................................................................

..........................................................................................................................



त्या आंब्याच्या झाडा पोंदा एक सोरोप एका बिळांत रावतालो. एक दीस कावळो आनी कावळीण खाण सोदूंक गेल्लीं तेन्ना तो सोरोप त्या झाडार चडलो. .....................

..........................................................................................................................

..........................................................................................................................

..........................................................................................................................

..........................................................................................................................



तीं दोगांय परत आयलीं. तांतयां ना तें पळोवन तांकां दुख्ख जालें. कावळ्यान एक मांडणी काडली. दुसरे दिसा एक राणी तळ्यांत न्हावपाक आयली तेन्ना ताणें तिचो हार काडलो आनी बिळांत उडयलो. हार सोदता-सोदता राणयेचे शिपाय कावळ्याच्या फाटोफाट बिळाकडें आयलें. .....................................................................................

.....................................................................................

.....................................................................................

देख : .....................................................................................

.....................................................................................

7. (क) तूं मायरन/मायरा डि सोझा, रावता ऍडविन अपार्टमँट, बोरकर मार्ग, परवरी-गोंय ह्या नाम्यार. थंयसावन आयच्या काळार झाडां सांबाळप कितलें गरजेचें हाची माहिती दिवपी चीट तुज्या इश्ट/इश्टिणीक बरय. 7

**वा**

तूं सरोज/सरोजा कामत, रावता घर नं. 505, खोर्ली-म्हापशें, गोंय ह्या नाम्यार. तुमच्या वाठारांत नेमान उदका पुरवण जायना. ताका लागून लोकांचे हाल जातात देखून ताचेर बेगोबेग उपाय घेवचे अशी मागणी करपी चीट कार्यकारी अभियंतो, उदकापुरवण खातें, म्हापशें-गोंय हांकां बरय.

(ख) सकयल दिल्ल्या **खंयच्याय एका** विशयाचेर सुमार **80-100** उतरांनो निबंद बरयात : 5

(1) मोडक्या सायकलीची आपजीण

(2) बाजारांत एक वर

(3) स्वच्छ भारत एक येवजण

(4) व्यायामाचें म्हत्व.